7st June 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या निमाणे सप्तकात, कॅनडांतल्या कना-नास्की हांगा जावपी, जी-7 शिखर सभेंत वाटेकार जावपाचे आसात.

- महाराष्ट्रातल्या गडचिरोली जिल्ह्यांत एक कोटी रुपयां एकठांय इनाम आशिल्ले बारा कट्टर नक्सली, सुरक्षा दळा मुखार शरण आयले.

- आयज देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी, ईद-उज-झुहा हि परब, धर्मीक उर्बे उमेदीन मनयतात.

- फ्रेंच उक्त्या टेनिस सर्तींत आयज बायलांच्या एकोड्या खिताब सर्तींत, आरीना साबालेंका, कोको गॉफ हांचे आड खेळतली.

पीएम कॅनडा -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या निमाणे सप्तकात, कॅनडांतल्या कना-नास्की हांगा जावपी, जी-7 शिखर सभेंत वाटेकार जावपाचे आसात. काल प्रधानमंत्री मोदी हांकां, कॅनडाचे प्रधानमंत्री मार्क कार्नी हांचो फोन आयिलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्री मोदी हांणी, कार्नी हांकां हालींच मेळिल्ल्या वेंचणुकेंतल्या जैताक लागून परबीं दिली आनी कना-नास्की हांगा जावपी, जी-7 शिखर सभेंत आमंत्रण दिल्ल्या खातीर, तांचे उपकार मानले. भारत आनी कॅनडा परस्पर आदर आनी हितसंबंदांनी, नव्यान उर्बेन एकठांय येवन काम करतले, अशें मोदी हांणी सांगलें. ह्या शिखर सभेंत कॅनडाच्या प्रधानमंत्र्यांक मेळपाची आस्त बाळगिता, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

Naxal MH - 100

एक कोटी रुपयां परस चड, एकठांय इनाम घेवन बारा कट्टर नक्सली लोकांनी, काल राज्यांतल्या गडचिरोली जिल्ह्यांत, महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांच्या हाजिरेंत, शस्त्रां दवरून सुरक्षा दळा मुखार शरण आयले. मुख्यमंत्री फडणवीस हांणी महाराष्ट्र-छत्तीसगढ़ शिमेचेर आशिल्ल्या, जिल्ह्यांतल्या पयसुल्ल्या कवांडे गांवाक भेट दिली. नक्सल प्रभावित वाठारांत प्रवेश करपी ते पयले मुख्यमंत्री थारल्यात. हे भेटी वेळार, 12 भियेल्ल्या अतिरेक्यांनी आपलीं शस्त्रां दवरलीं आनी गडचिरोली जिल्लो प्रशासन, पुलीस आनी सुरक्षा दळा मुखार शरण ते आयले. मुख्यमंत्र्यानी तांकां संविधानाची प्रत भेटयली. ह्या वेळार पत्रकारां कडेन उलयतना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, कि शस्त्रांचो त्याग केल्ले लोक, मुखेल प्रवाहांत सामील जावपाक सोदतात तशेच देश आनी संविधानाकडेन निष्ठेन रावपाक सोदतात.

पीएम जेके -

जम्मू-काश्मीरात काल उक्तावण जाल्ले, मेगा मुळावे साधनसुविधा प्रकल्प हे ह्या वाठाराच्या उदरगत प्रवासांत, एक महत्वाचे वळण आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. प्रधानमंत्र्यानी काल जम्मू-काश्मीरात, 46 हजार कोटी रुपया परस चड मोलाचे जायते उदरगत प्रकल्प सुरू केले. हातूंत कट्रा हांगाचो चेनाब आनी आंजी खाड पूल, उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे मार्ग प्रकल्प, दोन वंदे भारत रेल्वे आनी जम्मूंतल्या नव्या वैजकी म्हाविद्यालयाची बुन्याद, ह्या प्रकल्पांचो आस्पाव आसा. अत्याधुनीक चिनाब पुलाक लागून, जम्मू आनी श्रीनगर हांचे मदलो संपर्क सुदारतलो हाचेर भर दितना, प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे मार्ग प्रकल्प हो नव्या, सशक्त

जम्मू-काश्मीराचें प्रतीक आसून भारताच्या वाडट्या बळग्याची एक मोठी घोषणा आहे.

ईद-उझ-झुहा -

आयज देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी, ईद-उज-झुहा वा बकरी ईद हि परब, धर्मीक उर्बे उमेदीन मनयतात. ईदगाह आनी मशिदींत लोक नमाज पठण करतात. गोंयचे राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिलय आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम भावांक, बकरी ईदाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिलय हाणी आपल्या संदेशांत म्हळां, कि भारतांत आनी संवसारभर ईद-उल-झुहा पारंपारीक उमेदीन आनी खोशेन मनयतात. हि परब क्षमा आनी दान धर्माचें प्रतीक आसून, समाजांतल्या वांगड्यांमदीं एकचार वाडयता. ह्या प्रसंगाचेर सगळ्या धर्मांतल्या लोकांक शांती, मोग, इश्टागत आनी परस्पर समजूतींनी एकठांय रावपाचें आवाहन करतां, अशे राज्यपालांनी म्हळां.

बकरी ईदाच्या सणा वरवीं लोकांमदी एकजूट, शांतिकाय, दया, करूणा आनी मोगाची भावना वाडिक लागता. ह्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी, समाजाच्या आनी राज्याच्या उदरगती खातीर एकवटान वावर करपाक कटीबद्द जावया, अशें मुख्यमंत्र्यांनी आपल्या संदेशात म्हळां. ह्या उत्सवाक ईद अल-अधा वा ईद उल-आझा अशें लेगीत म्हण्टात.

**BREAK**

RCB Stempede -

ह्या सप्तकाचे सुरवेक रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूच्या आयपीएल जैता उपरांत चिन्नास्वामी स्टेडियमाच्या भायर जाल्ल्या चेंगराचेंगरींत 11 जाणांक मरण आयिल्ल्या घडणुकेविशी चवकशी कर्नाटक पुलिसांनी चड खर केल्या.

रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू फ्रँचायझी आणि कर्नाटक राज्य क्रिकेट असोसिएशन (KSCA) च्या काय वांगड्यांसयत हेरांआड्स कार्यावळ व्यवस्थापनात चूको जाल्ल्यान नवो प्राथमिक म्हायती अहवाल (FIR) दाखल केला. हाचेपयली RCB च्या कार्यावळ वेवस्थापन फर्म, DNA एंटरटेनमेंट नेटवर्क्स आड एफआयआर दाखल केल्लो.

राज्य क्रिकेट संघटणेन दाखल केल्ले याचिके उपरांत कर्नाटक उच्च न्यायालयान बेंगळुरू पुलिसांक संघटनेचे अध्यक्ष रघुराम भट, सचीव ए. शंकर, खजीनदार E.S. जयराम सयत केएससीएच्या तीन पदाधिकाऱ्यां आड कसलीच जबरदस्तीची कारवाय करची न्हय अशें निर्देश दिला. न्यायमूर्ती कृष्ण कुमार हांणी हो अंतरीम आदेश जारी केला आनी फुडली सुनावणी सोमारा जातली.

मराठी विद्वान मरण -

भारतीय महाकाव्यांचें खोलायेन गिन्यान आनी मराठी साहित्यांतल्या योगदाना खातीर, नामना मेळिल्ले विद्वान आनी लेखक, दाजी पणशीकर अल्प- काळाच्या दुयेंसाक लागून, महाराष्ट्राच्या ठाणे हांगाच्या तांच्या निवासस्थानार संवसाराक अंतरले. ताची पिराय 92 वर्सां आशिल्ली. आयज जवाहर बाग मसणभुंयेंत, ताचे कुडीचेर निमाणे संस्कार जातले. महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी, दुःख उक्तावन, तांका श्रद्धांजली ओपल्या. भारतीय संस्कृताय आनी संत साहित्याची गिरेस्तकाय उक्तावपी, विव्दान परंपरेंत ते म्हत्वाचो दुवो, अशेंय फडणवीस हाणी म्हळा.

फ्रेंच ओपन टेनिस-

फ्रेंच उक्त्या टेनिस सर्तींत आयज सांजे बायलांच्या एकोड्या खिताब सर्तींत, पयल्या क्रमांकाची आरीना साबालेंका, संवसारीक क्रमांक दोन कोको गॉफ हांचे कडेन खेळतली. बेलारूसाची साबालेंका हीणें, पोलंड खेळगडी इगा स्वीटेक हिका 7-6, 4-6, 6-0 अशा सेटांनी जाल्यार, अमेरिकन गॉफ  हीणें उपांत्य फेरयेंत, फ्रांसाची लॉयस बॉय-सनाक 6-1, 6-2 अशा सेटानी हरयल्ले. दादल्यांच्या एकोड्या सर्तींत संवसारीक क्रमांक 1 जानीक सिनरान, दुसरे क्रमांकाचे कार्लोस आल्काराझ हांचे कडेन खिताबाखातीर संघर्श सुरू केला.

Norway Chess title 100

नॉर्वेचो बुध्दिबळ ग्रॅण्डमास्टर मॅग्नस कार्लसन हाणें, स्टॅव्हँगरांत, नॉर्वे बुध्दिबळांत सातवो खिताब जिखलां. निमाण्या फेरयेत अमेरिकन ग्रॅण्डमास्टर फाबियानो कारुआनान स्टार भारतीय बुध्दिबळ खेळगडो डी गुकेशाक हारयलो आनी तीन पुराय गूण मेळयतकच पांच फावटीं संवसारीक विजेतो जाल्ल्या मॅग्नस कार्लसन हाणे खिताब जिकलो. भारतीय अर्जुन एरिगॅसी आड बरोबरी करून डिफेंडिंग चॅम्पियन कार्लसनान 16 गूण मेळोवन सर्त सोंपयली. फाबियानो कारुआनान 15.5 गूण मेळोवन दुसरो क्रमांक मेळयलो जाल्यार सध्याचो संवसारीक जैतिवंत डी.गुकेशाक 14.5 गूण मेळोवन तिसऱ्या क्रमांकाचेर समाधान मानचें पडलें.

हवामान - 90

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा वाठारांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीन सांगलें, कि ईशान्य वाठारात पावस फुडले सात दीस, चालूच उरपाची शक्यताय आसा. आंध्र प्रदेश दर्यादेग, तेलंगणा, रायल-सीमा आनी कर्नाटकांतल्या दक्षिण व्दीपकल्प वाठारांत तशेच विदर्भ, छत्तीसगड आनी ओडिशा हांगा, ह्या

म्हयन्याच्या 10 तारखे मेरेन गडगड, वारें आनी जगला सयत, पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फाल्यां मेरेन उदेंत राजस्थानात कमी ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास आसा जाल्यार, फुडल्या दोन दिसांत अस्तंत राजस्थानात, धुल्लाचे वारें व्हावपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हया म्हयन्याच्या निमाणे सप्तकात, कॅनडांतल्या कना-नास्की हांगा जावपी, जी-7 शिखर सभेंत वाटेकार जावपाचे आसात.

- महाराष्ट्रातल्या गडचिरोली जिल्ह्यांत एक कोटी रुपयां एकठांय इनाम आशिल्ले बारा कट्टर नक्सली, सुरक्षा दळा मुखार शरण आयले.

- आयज देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी, ईद-उज-झुहा हि परब, धर्मीक उर्बे उमेदीन मनयतात.

- फ्रेंच उक्त्या टेनिस सर्तींत आयज बायलांच्या एकोड्या खिताब सर्तींत, आरीना साबालेंका, कोको गॉफ हांचे आड खेळतली.

------------------